भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# देवा कडल्यान धाडिल्लो मनीस



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Byron Unger; Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- E. Frischbutter; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.

देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

एक दीस देवाच्या देवळांत भितर एक जाण्टो याजक, जकर्यास नांवाचो, धूप जळयतालो. भायर लोक प्रार्थना करताले. अचकीत जकर्यास थरथरलो.



एक देवदूत आयलो. “भियेवं नाका” ताणें सांगलें. “देवान म्हाका धाडला. तुज्या बायलेक एक पूत जातलो. ताका जुांव म्हण. तो जल्मा थावन पवित्र आत्म्यान भरिल्लो आसतलो. तो जायत्या लोकांक देवा कडेन वळयतलो.”





“उलय, जकर्याह.” भायर लोक घुस्पले. देवा कडल्यान आयिल्ल्या संदेशाचेर विस्वास दवरूंक नाशिल्ल्यान जॅकॅरियास भुरग्याच्या जल्मा मेरेन उलोवंक शकचो ना, अशें गाब्रिएल देवदूतान सांगिल्लें हें तांकां खबर नाशिल्लें. ताका दिसलें ताची बायल भुरगें जावपाक ज़ांटी जाल्या.

घरांत जकर्यासान देवदूतान सांगिल्लें सगळें बरयलें. ताची बायल एलिझाबेथ हिका अजाप जालें. तांणी सदांच एका भुरग्या खातीर प्रार्थना केल्ली. आतां अशें जावंक शकता?





रोखडेंच
एलिझाबेथाक एक
बाळक येतलें हें
कळ्ळें. तिणें देवाची
स्तुती केली. एक
दीस एलिझाबेथाची
मामेभयण
मरियम्मान भेट
दिली. मरियम्माकय
भुरग्याची अपेक्षा
आशिल्ली.



मरियम्म पावली तेन्ना
एलिझाबेताक आपलें
भुरगें तिच्या आंगा
भितर उडी मारता अशें
दिसलें. एलिझाबेथ
पवित्र आत्म्यान
भरिल्ली. मरियम्माचें
भुरगें प्रभु जेजू क्रिस्त
आसतलें हें तिका खबर
आशिल्लें. दोगांयनी
मेळून खोशीन देवाची
स्तुती केली.



एलिझाबेथाचें भुरगें देवान वचन दिल्ल्या प्रमाणें जल्मलें. “ताका जॅकॅरियास म्हणात, ताच्या बापूय सारको” हेर यादनिकानी म्हणलें. जकर्यायाक देवाची आदन्या याद जाली. “ना! भुरग्याचें नांव जुांव.” जॅकॅरियान तीं उतरां बरयलीं तेन्ना, ताचें भाशण परत आयलें. मागीर ताणें देवाची स्तुती केली.





जुांव व्हड जालो तेन्ना तो
देवाचो व्हडलो मनीस
एलिजा सारको आशिल्लो.
जुांवान लोकांक सांगलें की
मेसियास रोखडोच तांकां
आशीर्वाद दिवपाक येतलो.

ज्यू फुडाऱ्यांनी जुांवाचो दुस्वास केलो कारण ताणें तांकां म्हणलें, “पश्चाताप करात! पातक करप बंद करात.” तांकां आपल्या पात्कां विशीं आयकुपाची इत्सा नाशिल्ली.



हेरांनी ताका उदकाचो स्नान दिवपी जुांव म्हणलें, कारण ताणें लोकांक तांच्या पात्कां खातीर दुख जाता हें दाखोवंक उदकांत बुडयले. एक दीस, जेजू उदकाचो स्नान घेवंक जुांवा कडेन आयलो. “तुवें म्हाका उदकाचो स्नान दिवंक जाय” जुांवान विरोध केलो. पूण जेजून म्हणलें, “अशें आसूं.” आनी जुांवान ताका उदकाचो स्नान दिलो.



जेजूच्या उदकांत स्नाना उपरांत जुांवान पवित्र आत्मो जेजूचेर पारव्या रुपान आयिल्लो पळेलो. ही देवाची खूणा आशिल्ली. जेजू देवाचो पूत म्हण जुांवाक कळ्ळें. जुांवान जेजूक देवाचो मेंड्रो म्हणलें जो संवसाराचें पातक काडून उडयता.



जुांवान जायत्या जाणांक देवा कडेन व्हेले. पूण हेरोदास ह्या वायट राज्यकर्त्यान जुांवाक बंदखणींत घालो. “तुज्या भावाची बायल हेरोडियास, तुजीच म्हूण घेवप तुका पाप” जुांवान हेरोदाक सांगलें. हें खरें म्हण हेरोदाक कळ्ळें.





जुांव हो देवाचो सेवक, एक न्यायी आनी पवित्र मनीस अशें ताका खबर आशिल्लें. पूण ताका पातक बंद करपाची इत्सा नाशिल्ली. आनी जुांव पातकाचेर प्रचार करुंक थांबनाशिल्लो, जरी ताचो अर्थ बंदखण आसलो तरी.



ताच्या वाडदिसाक हेरोदान व्हडली मेजवानी केली. हेरोडियाची धूव ताचे खातीर नाचली. हाका लागून हेरोदाक खोशी जाली. “तुका जाय तें माग” अशें ताणें उतर दिलें. “म्हजें अर्दें राज्य लेगीत.”





“कितें मागचें?”
चलयेक अजाप जालें.
जुंवाचो दुस्वास
करपी तिची वायट
आवय, हेरोडियासान
तिका कितें मागचें तें
सांगलें! भयानक
आशिल्लें!

“उदकाचो स्नान दिवपी जुांवाची तकली म्हाका थाळींत दि” त्या चलयेन हेरोदाक म्हणलें. ताका आपल्या उतराचो दुख जालो, पूण तो मोडपाक चड अभिमान आशिल्लो. “जुवांवाची तकली कापून हांगा हाड” हेरोदान आदन्या केली. ताच्या सैनिकांनी ताचीं आदन्या पाळळी.



दुख्खान जुांवाच्या
इश्टांनी देवाच्या
धाडसी आनी विस्वासू
सेवकाची कूड पुरली.
जुांवान देवा खातीर
केल्लें काम आतां
सोंपलें. घडये तांकां
खबर आसलें की जेजू
तांकां तांच्या दुख्खांत
सांत्वन दिवंक शकता.



देवा कडल्यान धाडिल्लो मनीस

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

मार्क ६, लुकास १, ३

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरसार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16